पिवपाच्या उदकाचे नवे खाते करपाचो प्रस्तावाक आयच्या मंत्रीमंडळाच्या बसकेत मंजुरी मेळ्ळ्या.भौशीक बिंधकाम खाते आता फकत रस्तो तशेंच बांधकाम खात्याचे काम पळयतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.मंत्रीमंडळाच्या बसकेउपरांत घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत ते उलयताले. रोटवायलर आनी पीट बुल जातीच्या सुण्यांच्या जातीचेर ह्यानफुडे गोयांत बंदी घालपाचो निर्णय मंत्रीमंडळाच्या बसकेत जाला. तशेंच गोंयच्या सुटके झुजाऱ्यांच्या भुरग्यांक शीरवीस दीवपाच्या येवजणेवरवी सध्या 70-80 पात्र उमेदवार शीरवीसीत घेवपाचे उरल्यात,ह्या 6 म्हयन्याभीतर तांका शीरविशेत आसपावन घेवपाचो निर्णय जाल्ल्याची म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.

छत्रपती शिवाजी महाराजांचो आदर्श आमी सदांच नजरेसमोर दवरपाक जाय. शिवाजी महाराजांचे कार्य तरणाट्यांक प्रेरणादायी थारता .तांचो आदर्श नजरेसमोर दवरून कार्य केल्यार जिणेत यश अवश्य मेळटा. आयच्या तरण्याचे पिळगेन तशेच राजकर्त्यांनी छत्रपती शिवाजी महाराजांचो आदर्श नदरे समोर धरून कार्य करपाची गरज आसा. आयज सकाळी छत्रपती शिवाजी महाराजांच्या जयंतीच्या निमतान आपुण छत्रपती शिवाजी महाराजा योगदानाक याद करता आनि तांचो आदर्श नदरेसमोर धरून आम्ही सगळ्यांनी कार्य करून जीणेंत मुखार वचपाची गरज आसा अशें मत राज्याचे मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणीं उक्तायलें. आयज साखळे श्री छत्रपती शिवाजी महाराज चौकात शिवाजी महाराजांच्या तस्वीरेक फुला हार अर्पण केल्या उप्रांत मुख्यमंत्री उलयताले . हे वेळार साखळीचे राजकीय, सामाजिक ,शैक्षणिक स्तरावयले जाणकार शिवप्रेमी लोक वडासंख्येन हजर आशिल्ले. इतले मजगती गोंय सरकार आणि शिक्षा विजन दिवचल हांच्या जोडपालवान दिवचल शहरात सरकारी पातळीचेर छत्रपती शिवाजी महाराज जयंती वडानेटान मनोवप चालू असा .हे कार्यावळीक मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत, भाजपचे प्रदेशाध्यक्ष श्री दामू नायक ,दिवचलचे आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेटये, मये मतदारसंघाचे आमदार श्री प्रेमेंद्र शेट, दिवचलचे नगराध्यक्ष श्री विजयकुमार नाटेकर आनी हेर मानेस्त हजर आसात. इतले मजगती साखळी शहरात मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत यांच्यामार्गदर्शनाखाला शिवजयंतीची कार्यवळ वडा उमेदिन साजरी जाली .ह्या वेळार साखळी मतदारसंघातल्यान मोटरसायकल रॅली काडपांत आयली .साखळी रवींद्र भवन हांगसरसर हे रॅलीची सांगता झाली .रवींद्र भवनात शिवजयंती निमतान घेवपात अयिल्या विंगड विंगर सर्तीनच्या जैतीवंतांक इनामां भेटोवपात आयली. तेच प्रमाण नावेली ,अमोणे, कुडणे, मये ,विठ्ठलापुर ,तशेच सत्तरी तालुक्यात लेगीत शिवजयंती निमित्तान सर्ती आनी सांस्कृतीक कार्यावळी घडोवन हाडल्यात

फार्मागुडी, फोंडा हांगा छात्रपती शिवाजी महाराज जयंतीच्या निमतान आयोजित राज्य पांवड्यावेल्या कार्यावळींत मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत सहभागी जावन शिवाजी महाराजांच्या पुतळ्याक आर्गा ओपली.फार्मागुडी किल्ल्याच्या आवारांत सकाळीं छत्रपती शिवाजी महाराजांच्या पुतळयाचेर तानी माळ घाली. ह्या वेळार सहकार मंत्री श्री सुभाष शिरोडकर,कला आनी संस्कृती मंत्री श्री गोविंद गावडे, फोंडा नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष आनंद नाईक, सरपंच दीक्षा सतरकर, म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे संचालक श्री दिपक बांदेकर, आणि हेर मानेस्त हाजिर आशील्ले.फार्मागुडी फोंडा हांगाच्या श्री गणपती देवळाच्या आवारांत जालल्या मुखेल कार्यावळीत उलयतना मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हानी शिवाजी महाराजांचे प्रशासन स्वराज्य आणि सुराज्य हाचेर आधारित आशील्ले अशे सांगले. पंतप्रधान नरेंद्र मोदी हाणी शिवाजी महाराजांच्या प्रेरणेतल्यान अंत्योदय तत्वाचेर येवजणी पावोवपाचे काम केला अशे म्हळे. आज प्रत्येक युवकांन महाराजांचे गुण आत्मसात केल्यार युवकांचा फुढार आणि जीण बरी जातली अशे तानी मुखार उलयतना सांगले. उपरांत मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणि फार्मागुडी हांगा गोंयचे आदले मुख्यमंत्री सर्गेस्त दयानंद बांदोडकार हांच्या पुतळ्याक फुलांची माळ घाली आनी हेर मानेस्तानी फुलांचीं पाकळ्यो अर्पण केल्यो.

ह्या वेळार सहकार मंत्री श्री सुभाष शिरोडकर,कला आनी संस्कृती मंत्री श्री गोविंद गावडे हांची उलोवपा जाली.

ही वर्सुकी कार्यावळ म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान घडोवन हाडील्ली.

सुर सम्राज्ञी लता मंगेशकर हांचेर आधारीत चित्रांचे 19 वे "चित्र लतीका" हे प्रदर्शन कला अकादमीच्या आर्ट गेलरीत आयोजित केला. मध्य प्रदेश ,जबलपुर हांगचे रामकृपाल नामदेव हांणी लता मंगेशकराची 40 तेल चित्रा ह्या प्रदर्शनात साकारल्यात. 2013 सांवन ते लति मंगेशकर हाची चित्रा काडटात,जाल्यार ह्या चित्रांचे तांणी कलकत्ता,मुंबय,जबलपुर,अहमदाबाद हांगा ह्यानपयली आयोजन केला. गोंयात हे तांचे पयलेच चित्र प्रदर्शन.

फाल्यासावन फोंड्या राजीव गांधी कला मंदिरात कला अकादमीची ४९ वी कोंकणी नाटक सर्त सुरू जातली. ओंदू ह्या सर्तीत गोयातल्या २० नाट्य संस्थांनी वांटो घेतला. २० मार्च मेरेन ही सर्त चलतली. दर दिसा सांजे ७.०० वरांचेर नाटक सुरू जातले. मोर्ले - सत्तरीच्या सातेरी कलामंचाच्या ' फूक्या सवाय ' नाटकांन ह्या सर्तीची सुरवात जातली तर २० मार्चाक सादर जावपी वाळपयच्या कला अविष्कार संस्थेच्या ' साद अंतर मनाचा ' ह्या नाटकान कला अकादमीच्या ४९ व्या कोंकणी नाट्य सर्तीचो समारोप जातलो.

‘काळीज उसवलां’ हें पुस्तक आमी जशें जशें वाचीत फुडें वतात, तशे तशें ह्या पुस्तकाच्या दरेक पानांतल्यान आमकां फाटल्या काळांतल्या विसरुंक लागिल्ल्या घडणुकांचो आनी आमचेर जाण्ट्यां कडसून घडिल्ल्या संस्काराच्यो यादी जाग्यो जावंक लागतात. कांय शेंकड्या आदीं हांगा केरळांत येवन स्थायीक जाल्ल्या कोंकणी समाजाक हें पुस्तक वाचून आपलीं मुळां याद जावंक पावतली. उदय म्हांबरो हांची लेखनाची शैली काळजाक हात घालपी आसा. एखाद्र्या व्हांवत्या न्हंये सारके तांचे बरोवप वाचप्याक केन्ना आपलोसो करता ते कळना, अशें केरळचे राज्यपाल आनी गोंय विधानसभेचे आदले सभापती राजेंद्र आर्लेकर हांणी म्हणलें.
उदय म्हांबरो हांच्या ‘काळीज उसवलां’ ह्या कोंकणी पुस्तकाचो बालकृष्ण मल्ल्या हांणी मल्याळम भाशेंत अणकार केला. हें अणकार केल्लें पुस्तक कोचीन शारांत लोकार्पण करतना जाहीर कार्यावळींत राज्यपाल आर्लेकार उलयताले. ह्या वेळार माचयेर मूळ कोंकणी लेखक उदय म्हांबरो, प्रकाशक नवीन कुमार, मल्याळम भाशेंतले ज्येश्ठ लेखक एम के सानू हाजीर आसले.

सेंट फ्रान्सीस झेवियर फेस्त, नातलां, सनबर्न, नव्या वर्सा निमतान जायते पर्यटक गोंयांत आयले. आतां कार्निवल तशें शिगमोत्सवाचे फाटभूंयेरूय परदेशी नागरीक गोंयचे दिकेन वळटात, अशें अमेरिकेक रावपी आंतरराष्ट्रीय बुकींग पोर्टल एक्सपेडियान अहवालात म्हणला. २०२४ वर्सा इंचभर प्रमाणांत फाटीं पडले उपरांत गोंयान परत आपली सुवात ’इंटरनेशनल डेस्टीनेशन्स’त बळीश्ट केल्या अशें हातूंत म्हणलां. गोंय पर्यटनान ह्या वर्साची सुरवात बरी जाल्या अशें दिसता. एक्सपेडियाच्या २०२५ एअर हॅक्सच्या वर्सुकी संशोधन अहवाला प्रमाण गोंय जानेवारी २०२५ सावन सेगीत ट्रेंडांत आसा. आंकड्यांत सांगपाचें जाल्यार एक्सपेडियाचेर गोंयां खातीर फ्लायट बुकींग करप्यांची फाटल्या दोन वर्सांचे तुळेंत वट्ट १५५ टक्के वाड जाल्या. हे वळेरेंत गोंयां उपरांत रोमानियाचे बुखारेस्ट (१५० टक्क्यां परस चड), मेक्सिकोचे तिजुआना (८५ टक्क्यां परस चड), इटलीचे पेरुगिया (७० टक्क्यां परस चड) आनी चीनचे चेंगडू (६५ टक्क्यां परस चड) हांचो क्रमांक लागता. ट्रॅव्हल अँड टुरिझम असोसिएशन ऑफ गोवा (टीटीएजी) चे अध्यक्ष जॅक सुखीजा हांणी गोंयच्या आंतरराष्ट्रीय विमान बुकिंगांतल्या घटमूट ट्रेंडाचें श्रेय ताच्या घटमूट टुरिझम ब्रॅंड आनी भारतांत येवपी परदेशी पर्यटकां मदीं आशिल्ले लोकप्रियतेक दिलें.
गोंयांत येवपी वट्ट पर्यटकांचो आंकडो २०२३त ८६.२८ लाख आशिल्लो, तो २०२४त १.०४ कोटीं परस चड जालो. आमी कॉंटीटी (पर्यटकांचो आंकडो) हाचे कडेन लक्ष दि नासतना कॉलिटी कडेन फोकस केलां, अशें पर्यटनमंत्री रोहन खंवटे हांणी म्हणला.

शिवजयंती निमतान आयज दक्षिण गोंयांत वेगवेगळ्या सुवातींनी शिवरथाच्यो मिरवणुको भायर सरल्यो. मडगाव, कुडचडे, काणकोण ह्या सुवातींनी ह्यो मिरवणुको जाल्याे.

मडगावची मिरवणूक घोगळ मडगाव हांगासावन सुरु जाली. हे मिरवणुकेत शेंकड्यांनी शिवभक्तांनी वांटो घेतिल्लो. आमदार उल्हास तुयेकार, आलेक्स रेजिनाल्ड लॉरेन्स, विजय सरदेसाय तसेच मडगावचे नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकार हे ह्यावेळार हाजीर आशिल्ले.

कुडचड्यार शिवाजी सर्कल हांगासावन मिरवणुक जाली. हे मिरवणुकेत समाजकल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी सुरुवात करुन दिली. ह्यावेळार कुडचडेचे आमदार निलेश काब्राल हे हाजीर आशिल्ले. ते आदी रुमडामळ-दवर्ली हांगाच्या मैदानात आशिल्ल्या शिवाजी महाराजांच्या पुतळ्याचेर समाजकल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय हांचे हस्तुकीं अभिषेक जालो. ह्यावेळार आमदार उल्हास तुयेकार तसेच भाजपाचे प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक हे हाजीर आशिल्ले. शिवाजी महाराज हे रयतेचे राजा आशिल्ले अशें मत फळदेसाय हांणी उक्तायलेे. शिवजयंती निमतान आयज काणकोणाय मिरवणूक जाली. मिराबाग-सावर्डे हांगा शिवाजी महाराजांच्या पुतळ्यांक मानेस्तांनी हार ओंपून आर्गां ओंपली.